# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं</u>

ता. 4 सप्टेंबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शिक्षक दिसानिमतान गोंयच्या शिक्षक वर्गाक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. म्हान शिक्षक, तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी भारताचे आदले राष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जयंती दिसा प्रत्येक वर्सा शिक्षक दीस मनयतात.

पुरातन काळासावन आमच्या देशात शिक्षकांक उच्च आदर आनी मानसन्मान आसा. समाजात शिक्षकांकडल्यान जावपी योगदानाचो आदर म्हूण शिक्षक दीस मनयतात. शिक्षक आमका समाज आनी देशाचो बरो आदर्श मनीस जावपाक मदत करता. शिक्षक युवा व्यक्तिमत्वाची जडण घडण करतात आनी जापसालदार नागरीक जावपाक मार्गदर्शन करता.

हांव 2022-23 वर्साचो मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकांचे अभिनंदन करता. तुमी समाजाचे मार्गदर्शक थारतले आनी आपल्या योगदानातल्यान विद्यार्थ्यांक देशाचे आदर्श आनी जापसालदार नागरीक घडोवपाची सेवा अशीच चालू दवरतले, अशी आस्त बाळगीता, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/694

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.